**चोखाराम गर्ग हांचो सत्कार**

ता. 18 मे 2022

गोंय राज्यांतल्यान बदली जाल्ले सहकार सचीव श्री. चोखाराम गर्ग हांचो राज्य प्रशासनातल्या सेवेखातीर आयज सत्कार केलो.

पाट्यावयल्या सहकार संकुलात जाल्ल्या सुवाळ्यात सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांचे हस्तुकीं श्री. गर्ग हांचो सत्कार जालो.

ह्या वेळार उलयतना श्री शिरोडकर हांणी श्री. गर्ग हांच्या गोंयांतल्या सहकार चळवळीतल्या योगदानाची तोखणाय करून ते एक उत्कृश्ट आनी सकारात्मक दृष्टिकोण आशिल्ले अधिकारी आशिल्ल्याचे म्हणलें आनी हेर अधिकाऱ्यांनी तांच्या कार्यपद्धतीचे अनुकरण करपाक सांगलें.

गोंवा राज्य सहकारी बँकेचे अध्यक्ष श्री उल्हास फळदेसाय, गोंवा राज्य सहकारी संघाचे अध्यक्ष श्रीकांत नाईक हांणीय श्री गर्ग हांच्या कामाची तोखणाय केली.

श्री गर्ग हांणी सत्काराक उत्तर दितना संबंदीत अधिकाऱ्यांनी केल्ले सहकार्य आनी सत्काराबद्दल उपकार मानले.

सुरवातीक सहकार संस्था निबंधक श्री अरविंद खुटकर हांणी येवकाराचे उलवप केले.

पालवी निबंधक श्री रुपेश कोरडे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/354

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji